6th August 2025 सकाळी - 8.40

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीच्या कर्तव्य पथाचेर, कर्तव्य भवन-तीनाचे उक्तावण करतले.

- भारत-फिलिपीन्स भागीदारी, हि दोनूय देशांतल्या वाठारांत शांतताय, स्थिरताय आनी समृध्दीखातीर महत्वाची आसा, अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां.

- उत्तराखंडांतल्या उत्तरकाशी जिल्ह्यांत आयिल्ल्या हुवारा उपरांत, सोडणूक आनी बचाव कार्याक सुरवात. फुडल्या दोन  ते तीन दिसांत उत्तराखंडात, व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास, भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला.

- सहकारी संस्थांचें, यशस्वी वेवसायीक युनिटांत रुपांतर करपाक, सहकार मंत्रालय कटिबद्ध आसा, अशें केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां.

- बुध्दिबळांत आयज चेन्नयत, चेन्नय ग्रॅण्ड मास्टर्स सर्तीची तिसरी आवृत्ती, सुरू जातली.

पीएम कार्तव्य मार्ग -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीच्या कर्तव्य पथाचेर, कार्तव्य भवन-तीनाचे उक्तावण करतले. ह्या निमतान जावपी  भौशीक कार्यावळीक, ते संबोधित करतले. कार्तव्य भवन-३ हो मध्य विस्टाच्या, व्यापक रुपांतराचो एक भाग आसा. प्रशासकीय प्रक्रिया सुगम करपाचो आनी जलद गतीन, कामकाज सक्षम करपाचो हेत आशिल्ल्या, मुखार येवपी जायत्या केंद्रीय सचिवालय इमारतीं मदीं, ही पयली आसा, अशें आमच्या खबरकरांन सांगला.

भारत-फिलिपीन्स President -

भारत-फिलिपीन्स भागीदारी हि फकत दोनूय देशांतल्या लोकांक फायद्याची न्हय, तर ह्या वाठारांत शांतताय, स्थिरताय आनी समृध्दी खातीर महत्वाची आसा, अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें, की

द्विपक्षीय संबंद आता मुखावेल्या पावड्यार वचून ‘रणनीती भागीदारी’ कडेन पाविल्ल्यान, आमच्या बहुआयामी सहकार्याक आनीक बळगें मेळटलें. भारत आनी फिलीपीन्स हांचे मदीं, बऱ्याच काळासावन चलत आयिल्ली इश्टागत आसा, जी संस्कृताय संपर्क, इतिहासीक संबंद आनी सादारण मुल्यांचेर आदारिल्ली आसा, अशें तिणें सांगलें. दोनूय देशां मदल्या व्यापक सहकार्यांत उच्च पांवड्यावेली संलग्नताय, फुलपी वेपार आनी वाणिज्य आनी उदरगत भागीदारी सयत, घटमूट संरक्षण आनी सुरक्षा सहकार्याचो आस्पाव आसा, अशें राष्ट्रपतीनी नदरेक हाडलें.

पीएम फिलिपिन्स - 40

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी फिलीपीन्सचे राष्ट्र्ध्यक्ष फर्डि-नांद आर मार्कोस जुनियर हांचे मदीं, नवी दिल्लीच्या हैदराबाद हाऊसांत द्विपक्षीय उलोवणी जाली. भारत आनी फिलीपीन्स हांचे मदीं संस्कृताय, इतिहासीक आनी लोकां मदल्या संबंदांच्या बुन्यादाचेर आदारिल्ले लागींचे संबंद आसात, अशें परराश्ट्र मंत्रालयान सांगलां.

(BYTE – Philipins)

भारत आनी फिलीपीन्स -

भारत आनी फिलीपीन्स हांणी द्विपक्षीय सहकार्याक, रणनिती भागीदारीच्या पांवड्यार व्हरपाचें मान्य केलां. काल नवी दिल्लींत, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी फिलीपीन्साचे राष्ट्राध्यक्ष फर्डि-नांड आर मार्कोस जुनियर हांचे मदीं जाल्ले द्विपक्षीय उलोवणी वेळार, हो निर्णय घेतला. बसके उपरांत, संयुक्त पत्रकार निवेदनांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि भारत आनी फिलीपीन्स हांणी द्विपक्षीय उलोवपा वेळार रणनिती भागीदारी खाला, सहकार्याक मार्गदर्शन करपा खातीर 2025 ते 2029 ह्या काळांत, पांच वर्सांची कृती येवजण आपणायल्या. फिलीपीन्साचे राष्ट्राध्यक्ष मार्कोस हांची भारत भेट काल सुरू जाली आनी ती 8 ऑगस्ट मेरेन चालू आसतली. तांची हि पयली अधिकृत भारत भेट आसा.

अमित शाह -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला, सहकारी संस्थांचें जिवे आनी यशस्वी वेवसायीक युनिटांत रुपांतर करपाक, सहकार मंत्रालय कटिबद्ध आसा, अशें केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां. देशांत दोन लाख बहुउद्देशीय सहकारी संस्था स्थापन करपाच्या महत्वाकांक्षी लक्ष्या खाला, आतां मेरेन 35 हजारां वयर नव्यो सहकारी संस्था तयार जाल्यात, अशें तांणी सांगलें. नवी दिल्लींत सहकारी क्षेत्र घटमूट करपाच्या उपक्रमांचेर, आपल्या मंत्रालयाच्या सल्लागार समितीचे दुसरे बसकेचे अध्यक्षपद सामळतना, गृहमंत्री शहा हांणी हि म्हायती दिली. सहकार क्षेत्रांतल्यान जमनी नाशिल्ल्या गरीब लोकांक, समृध्दीची वाट उक्ती जावंक शकता. सहकार क्षेत्रात, शेतकी आनी शेतकारांच्या समृध्दी खातीर राष्ट्रीय पांवड्यावेल्यो तीन सहकार संस्था तयार केल्यात, अशेंय मंत्री शाह हाणी सांगलें.

**BREAK**

उत्तराखंड ढगफुटी - 80

उत्तराखंडांत उत्तरकाशी जिल्ह्यांतल्या धरली वाठारांत, ढगफुटीक लागून व्हड प्रमाणांत लुकसाण जाल्ल्याची म्हायती मेळ्ळया. आपत्ती वेवस्थापन पंगड घडनुक थळार आदार आनी बचाव कार्यावळींत सक्रीयपणान गुतलयात. मुख्यमंत्री पुष्कर सिंग धामी हांणी, हे घडणुकेचेर दुख्ख उक्तायलें. सोशल मिडियाचेर तांणी केल्ल्या पोस्टांत, SDRF, NDRF, जिल्लो प्रशासन आनी हेर संबंदीत पंगड, झुजा पांवड्यार आदार दिवपाखातीर वावुरतात, अशें तांणी सांगलें. तशेंच वरिश्ठ अधिकाऱ्यांकडेन तांचो सतत संपर्क आसा आनी परिस्थितीचेर बारीक नदर दवरतात, अशें मुख्यमंत्री धामी हांणी सांगलें.

(BYTE – Pushkar Singh Dhami )

एनआयए पंजाब सर्च -

अंदूं मार्चांत, अमृतसरांतल्या एका देवळाचेर जाल्ल्या आतंकवादी ग्रेनेड हल्ल्या संबंदी, राष्ट्रीय तपास एजन्सीन पंजाबातल्या 19 सुवातींनी, सोद कारवाय केली. काल अमृतसर, गुर-दासपूर आनी बाटला ह्या शिमेवयल्या जिल्ह्यांनी केल्ल्या सोदांत, एनआयएच्या पंगडांनी मोबायल आनी डिजिटल साधनां सयत जायतीं गुन्यांवकारी साहित्य जप्त केल्यांत. परकी हॅन्डलरांच्या आदारान आतंकवाद्यांनी, अमृतसरांतल्या शेर-शाह रस्त्यार आशिल्ल्या ठाकुर द्वार सनातन देवळांत ग्रेनेड उडयला, अशें निवेदनांत म्हणलां.

HIROSHIMA DAY - 70

अणुशस्त्राचो पयलो वापर जाल्ल्याक 80 वर्सां जातात त्या निमतान पुराय संवसार आयज हिरोशिमा दीस पाळटात. १९४५ वर्साच्या ह्याच दिसा अमेरिकेन 'लिटल बॉय' हो कोड आशिल्लो पयलो अणुबाँब जपानी हिरोशिमा शाराचेर सोडलो. जपानभरांतल्या लोकांक देशाच्या इतिहासांतलो एक काळोखी दीस याद जाता. आयज सकाळी हिरोशिमा पीस मेमोरियल पार्कांत जाल्ल्या ह्या वर्साच्या सुवाळ्याक सुमार पंचावन हजार लोक हाजीर आशिल्ले. अणुशस्त्रां नाशिल्लो संवसार तयार करापाक जपान बांदील आसा अशे ह्या सुवाळ्याक संबोधीत करतना प्रधानमंत्री इशिबा शिगेरू हांणी सांगलें.

झारखंड नक्सल - 60

झारखंडांत सुरक्षा दळ आनी गुमला पुलिसांनी काल राती गुमला जिल्ह्यांतल्या कामदरा हांगा पीएलएफआयचो नक्षलवादी मार्टीन केरकेट्टा हाका एन्कावंटरांत मारून उडयलो. पुलिसांनी ताचेर 15 लाख रुपया इनामाचें मोल जाहीर केल्लें. सुरक्षा दळ आनी जिल्लो पुलीस ह्या वाठारांत सोद कारवाय करतात. हे कारवायेंत शस्त्रां आनी दारुगुळो हांचोय व्हड सांठो जप्त केला. सूत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण ह्या एन्कावंटरांत आनीक दोन ते तीन नक्षलवाद्यांक मारिल्ल्याची म्हायती मेळ्ळ्या.

सत्यपाल मलिक - 20

गोंयचे तशेच जम्मू आणि काश्मीरचे आदले राज्यपाल, सत्यपाल मलिक काल संवसाराक अंतरले. तांची पिराय 79 वरसा आशिल्ली. दिल्लीतल्या राम मनोहर लोहिया हॉस्पिटलांत, ताणी निमणो श्वास घेतलो.

बुध्दिबळ चेन्नई मास्टर्स -

बुध्दिबळांत आयज चेन्नयत, चेन्नय ग्रॅण्ड मास्टर्स सर्तीची तिसरी आवृत्ती सुरू जातली. हे सर्तींत मास्टर्स आनी चॅलेंजर्स अशे दोन विभाग केल्ले, दोन राउंड-रॉबिन गट आसतात. आयज मास्टर्स राउंड 1च्या मॅचींत, भारतीय ग्रॅण्ड मास्टर अर्जुन एरि-गॅसी, अमेरिकन Awonder लिआंगा कडेन खेळपाचो आसा. जाल्यार, विदित गुजराथी, डच खेळगडो जॉर्डन व्हान फॉरेस्ट हांचे आड खेळटलो.

आयएमडी हवामान - 110

फुडल्या तीन दिसांत उत्तराखंडात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास भारत हवामान खात्यान उक्तायला. आयज हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, हरियाणा आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशांत व्हड पावसाची परिस्थिती आसतली. तशेंच आयज केरळाच्या कांय वाठारांनी उटंगाराचो पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला, आनी रेड अलर्ट जारी केला. आयज लक्षद्वीपात आनी शुक्रारा मेरेन तमिळनाडू, केरळ, माहे, कर्नाटक, दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, तेलंगणा, रायलासीमाचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, बिहार, ओडिशा, गंगेटिक अस्तंत बंगाल, झारखंड आनी गोंय ह्या उदेंत आनी अस्तंत वाठारांनीय फुडल्या 2 ते 3 दिसांत अशीच परिस्थिती पातळटली. ह्या सप्तकांत उत्तर उदेंत वाठारानी गडगड, वीज आनी कांय वाठारांनी उटंगाराचो पावस पडपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीच्या कार्तव्य पथाचेर, कर्तव्य भवन-तीनाचे उक्तावण करतले.

- भारत-फिलिपीन्स भागीदारी, हि दोनूय देशांतल्या वाठारांत शांतताय, स्थिरताय आनी समृध्दीखातीर महत्वाची आसा, अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां.

- उत्तराखंडांतल्या उत्तरकाशी जिल्ह्यांत आयिल्ल्या हुवारा उपरांत, सोडणूक आनी बचाव  कार्याक सुरवात. फुडल्या दोन  ते तीन दिसांत उत्तराखंडात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास, भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला.

- सहकारी संस्थांचें, यशस्वी वेवसायीक युनिटांत रुपांतर करपाक, सहकार मंत्रालय कटिबद्ध आसा, अशें केंद्रीय सहकार मंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां.

- बुध्दिबळांत आयज चेन्नयत, चेन्नय ग्रॅण्ड मास्टर्स सर्तीची तिसरी आवृत्ती, सुरू जातली.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर.   नमस्कार